# छायाचित्र सर्तीचो निकाल जाहिर

ता. 13 नाव्हेंबर 2017
22 कार्तिक 1939

म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यान आयोजित केल्ल्या राज्य छायाचित्र सर्तीचो निकाल जाहिर केला. गोंयची वास्तूकला-वर्गात पयले इनाम श्री. महिष एस. चोपडेकर, मिरामार, दुसरे दामोदर डी. सावंत, घोगळ मडगाव आनी तिसरे इनाम श्री. क्लिंटन फर्नांडिस, पणजी हांका फावो जाला. ह्या वर्गात श्री. साईश लोटलीकर, केळशी, सातू परब, पेडणे, सिध्दी एस. खोर्जूवेकर, नास्नोडा, युवराज एन. नाईक, खांडोळा-माशेल आनी दत्ताराम के. नाईक, टोंक-करंजाळे हांका उमेद वाडोवपी इनामा फावो जाल्या.

गोंयचो साधनसुविधा विकास-वर्गात पयले इनात श्री. हिमांक नार्वेकर, सुकूर, दुसरे रिचा नार्वेकर हरवळे आनी संजीव व्ही. सरदेसाय, सांतकृज हांका तिसरे इनामा फावो जाला. श्री. डंकन मास्कारेन्हस, हळदोण, प्रसाद पी. शिरोडकर, पणजी, शेखर नागडे, पर्रा, साईनंद ए. साळगांवकर वेर्ला-बार्देस आनी देवराज आर. परब गावकर, दिवचल हांका उमेद वाडोवपी इनाम फावो जाला.

श्री. किस्तोद एम. इस्तिबेरो (जेष्ठ छायाचित्रकार) श्री. ओलेन्सियो कुतिन्हो (वेवसायिक छायाचित्रकार आनी हॉलिव्हूड स्टुडियोचे मालक) आनी श्री. प्रकाश नाईक (गोंय कला महाविद्यालयाचे आदले व्याख्याते) हांचो आस्पाव आशिल्ल्या परीक्षक मंडळान छायाचित्र सर्तीचे परीक्षण केला.